आकाशवाणी पणजेच्या प्रादेशिक खबरा

Date: 12 /06 /2026 प्रादेशिक खबरो 7;20 PM वाचपी: - प्राप्ती गांवकर

Panaji regional 12 जून 2026 7:20 am

मुखेल खबरो.

- पंतप्रधान नरेंद्र मोदी हांच्या फुडारपणाखाला 12 वर्सांच्या कारकीर्दीत गोंयात महत्वाची उदरगत जाल्या अशे मुखेलमंत्री प्रमोद सावंत हांणी म्हणला.
- गोंयची भात बियांणी पुनरुज्जीवित करपाचो वावर गोवा राज्य जैवविविधता मंडळान हातात घेतला
- आदिवासी कल्याण संचालनालयान अटल आसरा योजनेखातीर गोंयातल्या आदीवासी समाजातल्या पात्र उमेदवारांकडल्यान अर्ज मागयल्यात
- अनंत अग्नी हांच्या आत्मसोद या पुस्तकाक T.M A. पै साहित्य पुरस्कार फावो जाला.

आता पुराय खबरो.

गोंयची भात बियांणी पुनरुज्जीवित करपाचो वावर गोवा राज्य जैवविविधता मंडळान हातात घेतला अशें मंडळाचे वांगडी सचीव डॉ. प्रदीप सरमोकादम हांणी सांगलां.

' रक्तसाळ ' नावांचे गोंयचे अस्सल भात बीं हालीच कांय शेतकारांक दिलां आनी तांची लागवड करपाक लायल्या अशें डॉ. सरमोकादम हांणी सांगलें

Byte (बायट - डॉ प्रदीप सरमोकादम)

Rashmi Narse 110

गोंयात 26 सुवातींनी AI आदारीत कॅमेरे सुरू करपाचो निर्णय गोंय येरादारी खात्यान घेतला.ही यंत्रणा 1 जुलय सावन सुरू जातली अशी म्हायती येरादारी खात्याचे मंत्री मावीन गुदीन्हो हांणी दीली. पणजे दोना- पावला हांगाच तीन वेगवेगळ्या सुवातेर तीन कॅमेरे आसात. AI camera वरवी चड वेगान गाडी चलवप हें नोंद जातले, आनी रस्तो नेमांचे उल्लंघन करप्यांक तांच्या घराच्या पत्त्याचेर आपोआप चलन

धाडटले. ही पद्दत 26 म्हत्वाच्या सुवातींनी सुरू करतात. हाका लागून लोकांक आपोआप आपली गती उणी करपाक प्रोत्साहन मेळटलें. लोकांक जागृत जावंक जाय म्हण ही यंत्रणा योग्य रितीन चालीक लावंक जाय, अशे मंत्री माविन गुदीन्हो हांणी म्हणला.

Rashmi Narse 110

आदिवासी कल्याण संचालनालयान अटल आसरा योजनेखातीर गोंयातल्या आदीवासी समाजातल्या पात्र उमेदवारांकडल्यान अर्ज मागयल्यात. ह्या योजनेवरवी अनुसूचित जमाती (एसटी) कुटुंबांक नवें घर बांदपाक वा जुनें घर परत उबारपाक ₹5 लाखां पर्यंत आर्थिक मजत मेळूं शकता, जाल्यार घराच्या दुरुस्तीखातीर ₹3 लाखां पर्यंत अर्थिक मजत सरकार दिता.

ह्या येवजणेचो लाव मेळोवपाखातीर वर्सुकी उत्पन्नाची पात्रताय मर्यादा ₹3 लाखांवयल्यान वाडोवन ₹5 लाख केल्या . ह्या बदलाक लागून चडान चड अनुसुचीत जमातीच्या कुटुंबांक घरा बांधपाक जांव नुतनीकरणांखातीर आर्थिक सहाय्य मेळोवप सहज शक्य जाला.

Rashmi Narse 105

गोंय उजो पालोवपी दळ आनी आपत्कालीन सेवा संचालनालयान प्रशिक्षण आनी क्षमता वाडोवपाच्या उद्देशान उजो पालोवपाचे प्रशिक्षण मॉड्यूल तयार करपाखातीर ₹12.68 लाखांचो निविदा काडल्या. प्रस्तावित प्रणालींत डिजिटल प्रशिक्षण नोंदी, उपस्थिती नोंद, प्रशिक्षण वेळापत्रक व्यवस्थापन साधनां, विश्लेषणात्मक डॅशबोर्ड आनी उजो पालोवपा संबंदित णंव मुख्य अभ्यासक्रम आसतले. ह्या वेब-आधारित व्यासपीठाच्या माध्यमांतल्यान उजो पालोवपी कर्मचारी, स्वयंसेवक आनी हेर संस्थांक ई-लर्निंग, प्रशिक्षण व्यवस्थापन आनी प्रमाणपत्र सेवा दीतले.

ह्यो खबरो तुमी आकाशवाणी पणजी केंद्राच्या प्रादेशिक खबरा विभागावर्वी आयकतात.

आता मुखावयल्यो खबरो.

sushant kunkolienkar 114

मणिपाल- कर्नाटक हांगासल्ल्या डॉ. T.M A पै फाऊंडेशनच्या 2024 वर्साच्या नामनेच्या डॉ. T.M A. पै साहित्य पुरस्काराखातीर अनंत अग्नी हांचे 'आत्मसोद' हे पुस्तक वेचून काढला. मानचिन्ह आनी रोख पंचवीस हजार रुपया अशें ह्या पुरस्काराचें स्वरूप आसा. गोयांतली मुखेल प्रकाशन संस्था संजना पब्लिकेशन्सन हाणी 'आत्मसोद' हो लेखसंग्रह प्रकाशीत केला. ह्या पुस्तकांत लेखकान पालकत्व, व्यक्तिमत्व विकास, तणावमुक्ती आनी करिअर मार्गदर्शन सारक्या विशयांचेर आपल्या अणभवांतल्यान बरयिल्ल्या लेखांचो

आस्पाव केला. थोड्याच तेंपांत ह्या पुस्तकाच्यो दोन आवृत्त्यो प्रकाशीत जाल्यात. ह्या पुस्तकाचो इंग्लीश अणकार रोकडोच प्रकाशीत जातलो.

Desk 49

गुरू सांग्युसांग पोंगेनर हाणें आओ-नागा लोककला आनी संस्कृतीक परंपरा तिगोवन दवरपाक आनी तिचो प्रसार करपाक स दशकां परस चड काळ ओंपला ताणी  दोन हजारांवयर तरणाट्या कलाकारांक प्रशिक्षण दिलां आनी शंभरापरस चड अप्रेंटिसांक मार्गदर्शन केलां तांच्या कार्यक लागून तांकां २०२६ वर्सात भारताचो चवथो सर्वोच्च नागरी सन्मान पद्मश्री पुरस्कार फावो जाला.

byte

Rashmi Narse 188

स्वच्छ भारत अभियानाच्या अंमलबजावणीचो नियाळ घेतना राज्यांत पयली कितलो कोयर आसलो आनी आतां कितलो  कोयर उरला, हाचो अभ्यास करप गरजेचो आसा अशे पंचायत मंत्री मावीन गुदीन्हो हांणी म्हणला. गोंयातल्या  कोयर व्यवस्थापन व्यवस्थेचो सखोल आढावो घेवापाची गरज ताणी ह्यावेळार उक्तायल्या.

ह्यानपयली गोंयात कितल्यो मटेरियल रिकव्हरी फॅसिलिटीज (एमआरएफ) आसल्यो आनी आतां कितल्यो कार्यरत आसात, हाचोय विचार जावपाक जाय. चिखली हांगसल्ल्या  कोयर प्रक्रिया प्रकल्पासयत राज्यांतल्या दुसऱ्या अशाच प्रकल्पांची कार्यक्षमताय तपासपाची गरज आसा अशे  ताणी  म्हणला.

आपल्या वॉर्डांत आनी पंचायत क्षेत्रांत कोयराच्या विल्याचे व्यवस्थापन करप हें पंचायतांचें कर्तव्य आसा. दुर्दैवान, कांय पंचायतां ह्या बाबतींत कमी पडता, अशी ताणी खंत उक्ताय्ल्या.

प्रत्येक व्यक्तीन आपूण निर्माण करता तो कचरो हाचो विचार करप गरजेचो आसा. गांव स्वच्छ दवरप ही सामूहिक जबाबदारी आसून, कचऱ्याचें योग्य व्यवस्थापन आनी विल्हेवाट लावप हें सगळयांचें कर्तव्य आसा, अशें तांनी स्पष्ट केलें.

## sushant kunkolienkar  109

कोंकण रेल्वे महामंडळान तिकेट तपासपाची प्रक्रिया चड खर केल्या आनी मे म्हयन्यांत 951 तिकीट तपासपाच्यो मोहीमो हातांत घेवन ; तिकेट नासतना प्रवास केल्ल्या 61051 जणांक दंड केला.

कोकण रेल्वे महामंडळाचे जनसंपर्क अधिकारी बबन घाटगे हाणी ही माहिती दिल्या. ह्या दंडाक लागून कोंकण रेल्वेच्या तिजोरेंत 3.70 कोटी रुपयांची भर पडल्याचे ताणी सांगले.

कोंकण रेल्वे प्रवाशांनी वैध तिकेट घेवन प्रवास करचो आनी तिकेट नासतना प्रवास करचो न्हय अशें आवाहन ताणी केलां.

खेळ

गोंयचो क्रिकेट खेळगडो चिगुरुपति वेंकटान 4 जुलय सावन सुरू जावपी श्रीलंकेच्या येवपी भोंवडे खातीर भारताच्या 19 वर्सां सकयल्या पंगडांत सुवात मेळयली.

हवामान 42

भारतीय हवामान खात्याच्या पणजी वेदशाळेन दिल्या आदमासा प्रमाण गोयात कमाल तापमान ३३. अंश celcius आसतले जाल्यार किमान तापमान २८ अंश celcius नोंद

जाला तशेच काय सुवातानी मध्यम ते व्हडा प्रमाणत पावस पडपाची शक्यताय आसा.

परतून एक फावट काय मुखेल खबरो.

- पंतप्रधान नरेंद्र मोदी हांच्या फुडारपणाखाला 12 वर्सांच्या कारकीर्दीत गोंयात महत्वाची उदरगत जाल्या अशे मुखूलमंत्री प्रमोद सावंत हांणी म्हणला.
- गोंयची भात बियांणी पुनरुज्जीवित करपाचो वावर गोवा राज्य जैवविविधता मंडळान हातात घेतला
- आदिवासी कल्याण संचालनालयान अटल आसरा योजनेखातीर गोंयातल्या आदीवासी समाजातल्या पात्र उमेदवारांकडल्यान अर्ज मागयल्यात
- अनंत अग्नी हांच्या आत्मसोद या पुस्तकाक T.M A. पै साहित्य पुरस्कार  फावो जाला.

इतल्यान ह्यो प्रादेशिक खबरो सोपल्यो

आमचे फुडले प्रादेशिक खबरापत्र तुमका आयकुक मेळटले - फाल्या सकाळी सात जावन पंचवीस मिंनटाचेर.